**Panaji** **18.03.2025** **7.25 am**

रश्मि 110

बायलांक सक्षम करपाक चालीक लायिल्ले कायदे ,तांची अमंलबजावणी आनी फुडारात हे वीशी घेवपाचे महत्वाचे निर्णय ह्या विशयाचेर गोयांत आयोजीत केल्ल्या 3 दीसाच्या कार्यावळीचे उक्तावण मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी केले. विकसित भारत करतना नारी शक्तीक सक्षम करपाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी विशेश महत्व दीला.बेटी बचाओ,बेटी पढाओ,राजकारणात बायलांक 33% आरक्षण, बायलांचेर जावपी अत्याचाराआड खर कायदे,उद्देग मळार संद आनी वेगवगळ्यो महत्वाच्यो येवजण्यो चालीक लांवन बांयलांक सक्षम करपाक भाजपाच्या सरकारान महत्व दीला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हे वेळार म्हणले. बायलांक सक्षम करपाक सरकारान ज्यो येवजण्यो चालीक लायल्यात ताचो लाव बायला मेरेन पावयात,तशेंच बायलाआड जावपी अत्याचाराआड कायद्याप्रमाण खर कारवाय करात अशे हे वेळार उलयताना राश्टीय बायला आयोगाची अध्यक्ष विजया रहाटकार हाणी म्हळे.

DIP 130

उत्तर गोंय जिल्लोधिकाऱ्यान एका आदेशा वरवीं उत्तर गोंय वाठारांतल्या सगळ्यां हॉटेलांचे मालक/वेवस्थापन, लॉजिंग-बोर्डिंग, खाजगी गॅस्ट हाऊसीस, पेईंग गेस्ट हाऊसीस, घर, इमारत, फ्लॅट मालक, तात्पुरती निवासाची वेवस्था करपी घरमालक आनी धार्मिक संस्थांनी आपल्या कडे येवपी गिरायकांची वळख पटोवपा खातीर गिरायका कडे 'मतदार कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड, आधार कार्ड, पासपोर्ट ह्या सारख्या वळखपत्राची मागणी करपाक सागला. वळख पटयल्या बगर गिरायकांक आपल्या हॉटेलात वा घरांत रावपाक दिवचे न्हय. तशेंच मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारुची म्हायती पुलीस खात्यान तयार केल्ल्या पथीक-PATHIK ह्या सॉफ्टवेरांत नोंद करपाक जाय. भाडेकारांची म्हायती लागीच्या पुलीस स्टेशनार दिवपाची गरज आसा. मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारांची

म्हायती सांबाळून दवरची आनी गरज आसता तेन्ना अशी म्हायती पुलीस यंत्रणेक उपलब्ध करची.तशेंच उत्तर गोंयांतल्या सगळ्या राष्ट्रीयकृत बँकाच्या प्रमुखांनी आपल्या एटीएमांनी सुरक्षा रक्षक नेमपाक आनी सीसीटव्ही कॅमेरे लावपाक सांगला. हो आदेश फाटी घे म्हणसर फुडल्या 60 दिसां खातीर लागू उरतलो.

रश्मि 150

शाळांतल्या विद्यार्थ्यांक माधान्य आहार दीवपाक राज्य सरकारान iskon संस्थेच्या अक्षय पात्र ह्या केटरींग सर्विसीक काम दीला.अक्षय पात्राच्या 78व्या रांदच्या कुडीचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. णव्वी आनी धावी यत्तेच्या विद्यार्थ्यांक ह्या वर्सासावन शाळांनी माधान्य आहार दीतले. पुर्णवेळ शाळा सुरू जायत जाल्यार अक्षय पात्रा वरवी दनपारचे जेवणुय सरकार विद्यार्थ्यांक दीतले. हे शिवाय होस्पीटल, बंदखणी तशेच हेर सरकारी भौशीक उपेगांच्या थळार अक्षय पात्रावरवी कॅन्टीन सूरू करपाचो सरकाराचो विचार आसा पुण राज्यातल्या शाळांनी आप मजत गटावतीन दीवपी माधान्य आहारांचे कंत्राट सरकार रद्द करचे ना, मात तांणी अन्नाचो दर्जो आनी पुश्टीकताय सांभाळची अशे मुखेलमंत्र्यान हे वेळार उलयताना सांगले. सध्या अक्षय पात्रावरवी देशातल्या 23 लाख विद्यार्थ्यांक माध्यान्य आहार दीतात,विद्यार्थ्यांक शैक्षणीक बऱ्या साधन सुविधासयत बरो आहारूय मेळप गरजेचे अशे ह्यावेळार अक्षयपात्राचे व्यवस्थापकीय संचालक चंचलपती दासा हांणी म्हणला. ह्या कार्यावळीक साळगावचे आमदार केदार नायक, शिक्षण खात्याचे सचीव प्रसाद लोलयेकिर,उत्तर गोंय जिल्होधिकारी स्नेहा गीते,national payments corporation of india चे अधीकारी दीलीप आझमी,पालक,विद्यार्थी साळगाचे पंचायत मंडळ तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

DIP 90

गोय विद्यापिठान एप्रिल/मे 2025 मजगती जावपी इंजिनियरींग पद्व्युत्तर (सेमिस्टर एक ते स) परिक्षे खातीर आनी मे/जून 2025 मजगती जावपी इंजिनियरींग पदवी (सेमिस्टर पाच ते आठ) परिक्षे खातीर अर्ज करपाची आनी परिक्षेची तारीख निश्चीत

केल्या. एप्रिल/मे 2025 ची परिक्षा 28 एप्रिल 2025 सावन सुरू जातली तर मे/जून 2025 ची परिक्षा 26 मे 2025 सावन सुरू जातली. दोनूय परीक्षे खातीर ऑफलायन अर्ज 17 ते 28 मार्च 2025 मेरेन सुपुर्द करपाक जाय. उसरां दिले ऑफलायन अर्ज 340/- रु शुल्क. सयत 4 एप्रिल 2025 मेरेन स्विकारतले. चड म्हायती खातीर गोय विद्यापिठाच्या www.unigoa.ac.in ह्या वेबसायटीक भेट दिवची.

DIP 100

गोंय राज्य सरकाराच्या समाज कल्याण संचालनालयान डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात. 14 एप्रिलाक डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जयंती दिसा हे पुरस्कार भेटयतले. रोख 25,000/- रूपया, शाल, श्रीफळ आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात हे पुरस्कार आसात. 25 वर्स वा ते परस चड काळ अनुसूचीत जातीतल्या घटकांचो सामाजिक, आर्थिक, शिक्षणीक आनी सामान्य जीणेचो दर्जो सुदारपा खातीर काम करपी व्यक्तिंक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. ह्या पुरस्काराखातीर 60 वर्सां पिरायेवयली गोंयकार व्यक्ती आसपाक जाय. इत्सूक व्यक्तिंनी अर्ज आनी चड म्हायती खातीर समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी गोंय हांगा कामाच्या वेळेंत संपर्क करचो. पूर्ण भरिल्ले अर्ज आवश्यक दाखल्यांसयत स्वीकारपाची निमाणी तारीख 1 एप्रिल आसा.